**राष्ट्रीय युवा महोत्सवा खातीर निवड चाचणी**

ता. 21 डिसेंबर 2021

पुडुचेरी हांगा ता. 12 ते 16 जानेवारी 2022 मेरेन जावपी 25 व्या राष्ट्रीय युवा महोत्सवात गोंयचे प्रतिनिधीत्व करपाक 15 ते 29 वर्सा पिराये मजगतीच्या युवकांचो राज्य पंगड निवडपाखातीर खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयान ता. 27 आनी 28 डिसेंबर 2021 दिसा इंडोर स्टेडिएम, कांपाल पणजी हांगा सकाळी 9.30 ते सांजेची 5.30 वरांमेरेन निवड चाचणी आयोजीत केल्या.

ता. 27 डिसेंबर 2021 दिसा लोकगीत पंगड, गोंयचे थळावे खेळ, सादरीकरण कला आनी मार्शल आर्ट खातीर जाल्यार ता. 28 डिसेंबर 2021 दिसा लोकनाच, वक्तृत्व, संभाशण आनी वादविवाद पंगडाची निवड करपा खातीर निवड चाचणी जातली.

निवड चाचणीक हजर रावपाक इत्सुक आशिल्लो युवक/पंगड वयल्या संबंदीत कलाप्रकारांत निपूण आसपाक जाय आनी राज्य/राष्ट्रीय पांवड्यावयल्या सर्तीनीं सहभागी जाल्लो आसपाक जाय आनी पुरावो म्हूण दाखलो/प्रमाणपत्र दाखोवपाक जाय.

लोकनाच/लोकगीत पंगडांक कमीत कमी तीन वेगवेगळे नाच/गीत प्रकार सादर करपाचो अणभव आसपाक जाय. निवड चाचणीक सहभागी जावपी युवकांनी कोवीड वासिनाचे दोनीय डोस घेतिल्ले आसपाक जाय आनी वासिनीकरणाचे प्रमाणपत्र दाखोवपाक जाय. तशेंच तांणी स्वताचो भेस, प्रॉप आनी वाद्यां हांडपाक जाय. फाटल्या तीन वर्सांतल्या राष्ट्रीय युवा महोत्सवांनी वाटो घेतिल्ल्या युवकांक निवड चाचणीत सहभागी जावपाक मेळचे ना.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1066

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji